राष्ट्रीय खबरो

29.05.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी देवश्री कामत तुमका राष्ट्रीय खबरो दीता.

हयो आसात काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती भवन सांस्कृतीक केंद्रांत आयज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू साहित्य परिशदेचें उक्तावण करतली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सिक्किम, अस्तंत बंगाल आनी बिहाराक भेट दिवन जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले

ऑपरेशन सिंदूर वेल्या भारताच्या राजनैतिक संपर्काचो भाग म्हणून JDU खासदार संजय झा हाच्या फुडारपणाखालचे सर्वपक्षीय संसदीय शिष्टमंडळ इंडोनेशियातल्या जकार्तात पावल्या.

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालय येत्या काय दिसांनी योग दिसाये फांटभुयेर मोहीमो राबयतले

भारतिय  हवामान खात्यान आयज ईशान्य वाठार, दर्यादेग आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, केरळ, तमिळनाडू आनी पुडुचेरींत घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत प्लेऑफाची सुरवात आयज जातली.

मुरमू 30

राष्ट्रपती भवन सांस्कृतीक केंद्रांत आयज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू साहित्य परिशदेचें उक्तावण करतली. दोन दिसांच्या परिशदेंत कवी संमेलन, भारतांतलें स्त्रीवादी साहित्य, साहित्यांतले बदल विरुद्ध बदलाचें साहित्य, संवसारीक नदरेन भारतीय साहित्याची नवी दिका अशीं वेगवेगळीं सत्रां आसतलीं.

जगदीप 40

लोकसंख्या, लोकशाय आनी विविधताय हे तीन मुखेल खांबे हे नव्या भारताच्या आत्म्याची व्याख्या करतात अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी म्हणला. मुंबयंत इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर पॉप्युलेशन sciences च्या दीक्षांत सुवाळ्यांत उलयतना उपराष्ट्रपतीनी  नदरेक हाडलें की हे खांबे भारताचे अस्मितायेचें सार आनी ताची आकांक्षा प्रतिबिंबित करतात.

सावरकर 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी स्वातंत्र्यसैनिक विनायक दामोदर सावरकर हांच्या जयंतीनिमित्त आदरांजली ओपली. सोशल मीडिया पोस्टात ताणी म्हणले की, सावरकर हे भारत-मातेचे खरे सुपुत आशिल्ले आणि ब्रिटीश सरकारान केल्या कठोर छळान लेगीन तांची मायभुयेवेली भक्ती डळमळीत जाली ना. स्वातंत्र्य चळवळीतल्या तांच्या धैर्याची आणि संघर्षाची गाथा कृतज्ञ राष्ट्र केन्नाच विसरूक शकना अशे मोदी हाणी म्हणले.

मोदी 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सिक्किम, अस्तंत बंगाल आनी बिहाराक भेट दिवन जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.सिक्किमांत आयज सकाळीं Gangtokआंत  जावपी “सिक्किम@50: जंय प्रगती उद्देश पुराय करता आनी सैम उदरगतीची पोसवण करता ” हया कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र

मोदी वांटो घेतले. तशेंच सिक्किमच्या लोकां खातीर खुपशा विकास प्रकल्पाची बुन्याद घालतले आणि उक्तावण करतले. उपरांत प्रधानमंत्री अस्तंत बंगालाक भेट दितले आनी अलीपुर/द्वारातल्या अलीपुर/द्वार आनी कूच बिहार जिल्ह्यांतल्या सिटी गॅस वितरण प्रकल्पाचो बुन्याद घालतले. आयज सांजवेळार ते पाटणा विमानतळाच्या नव्यान बांदिल्ल्या प्रवासी टर्मिनलाचें उक्तावण करतले. उपरांत रोडशो करतले. तशेंच प्रधानमंत्री बिहटा विमानतळाच्या नव्या शारी वाठाराचो बुन्याद घालतले.

झा 100

भारताचे बहुपक्षीय शिष्टमंडळ जागतिक स्तरार पाकिस्तानी सीमापार दहशतवाद उक्ताडार हाडत आसात. ऑपरेशन सिंदूर वेल्या भारताच्या राजनैतिक संपर्काचो भाग म्हणून JDU खासदार संजय झा हाच्या फुडारपणाखालचे सर्वपक्षीय संसदीय शिष्टमंडळ इंडोनेशियातल्या जकार्तांत पावल्या. पाकिस्तान पुरस्कृत दहशतवादाविरुद्ध भारताच्या जागतिक संपर्काचो भाग म्हणून या शिष्टमंडळान आतामेरेन जपान, दक्षिण कोरिया आणि सिंगापूराक भेट दिली. दहशतवादाविरुद्ध भारताच्या दृढ वचनबद्धतेबद्दल तांका जागरूक करपाक शिष्टमंडळान आंतर-संसदीय सहकार्य समितीची भेट घेतली. इंडोनेशिये वतीन म्हणला की ते दहशतवादाचो निषेध करतात आणि समस्या सोडवपाक संवादाचेर विश्वास दवरतात. तांणी भारताच्या शून्य-सहिष्णुतेच्या दृष्टिकोनाचे समर्थन केले. हेविशी सांगताना संजय झा हाणी म्हळे की.. **Byte**

कॅबिनेट 70

अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन 2025-26 वर्साच्या विपणन हंगामा खातीर चवदा खरीप पिकां खातीर उण्यांत उणी आदार किंमत म्हळयार (msp ) वाडोवपाक, 2025-26 वित्तीय वर्सा खातीर सुदारीत व्याज अनुदान येवजण चालू दवरपाक तशेंच महाराष्ट्र आनी मध्य प्रदेशांतल्या भारतीय रेल्वेंत दोन मल्टीट्रॅकिंग प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें की शेतकारांक तांच्या उत्पादनांक फावो तो दर मेळचो हे खातीर सरकारान 2025-26 वर्साच्या विपणन हंगामा खातीर खरीप पिकांचो msp वाडयलां.

UPSC 90

केंद्रीय लोकसेवा आयोगान (UPSC) नोंदणी आणि अर्ज भरपाक एक नवीन ऑनलाइन अर्ज पोर्टल सुरू केला. या पोर्टलाक लागुन उमेदवारांक अर्जातले केन्नाय पयले तीन भाग भरपाक मेळटले आणि आवश्यकते प्रमाण अपडेट्सा सयत कसल्याय UPSC परीक्षे खातीर अर्ज करपाक तयार रावपाक शकतले, जाका लागुन वेळ वाचतलो आणि निमण्या खीणाक जावपी गर्दी टाळुंक शक्य जातले. UPSC न एका निवेदनात म्हणला की, सगळ्या अर्जदारांनी upsconline dot n.i.c dot in या वेबसाइटीचो वापर करून नव्यान सुरू केल्या पोर्टलाचेर अर्ज भरचे आणि कागदपत्रा नव्यान अपलोड करची. पोरणे वन टाइम रजिस्ट्रेशन (OTR) मॉड्यूल हाचे फुडे लागू आसचे ना

जयशकर 140

काल नवी दिल्लींत आफ्रिका दीस 2025 सुवाळ्याक हजर रावताना परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत आनी आफ्रिका हांचे मदीं खोल एकता आणि अतूट इश्टागत आसा अशें म्हणून आफ्रिकेची उदरगत, समृध्दी आनी प्रगती हांचे खातीर भारत पुरायपणान कटिबद्ध आसा अशें सांगलें. ग्लोबल

साउथचो भागीदार म्हूण भारत संवसारीक संस्थांनी आनी चर्चासत्रांनी आफ्रिके खातीर नेटान घटमूट आवाज काडता. मजगती परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला की, दहशतवादी कारवायांपासून आपल्या जनतेचे रक्षण करपाचो भारताचो अधिकार जगभरातल्या देशांनी मान्य केला. नवी दिल्लीत इटलीच्या राष्ट्रीय दिसानिमित्त इटलीच्या दूतावासात आयोजित कार्यक्रमात उलयताना, डॉ. जयशंकर हांणी जम्मू आणि काश्मीरातल्या पहलगामात जाल्या क्रूर दहशतवादी हल्ल्या उपरांत इटलीन भारताक दिल्या एकता आणि तेक्याचे कौतुक केले. भारतान संबंधित दहशतवादी केंद्रा आणि लाँचपॅड नष्ट करून एक दृढ, निश्चीत आणि मेजुन मापुन जाप दिल्या.  भारताचो असो विश्वास आसा की दहशतवाद आणि सीमापार दहशतवादाक जग केन्नाच सहन करचे ना अशे जयशंकर हाणी म्हळे

Kanchenjunga 100

आठ हजार पाचशे श्यांशी मीटर उंचायेवेल्या कांचनजंगाच्या शिखरार चढाय केले उपरांत राष्ट्रीय पर्वतारोहण आणि साहसी खेळा संस्थेच्या पंगडान सुरू केले हर शिखर तिरंगा मोहीम यशस्वीरित्या पूराय जाली. निमासचे संचालक आणि कांचनजंगा मोहिमेचे पंगड प्रमुख कर्नल रणवीर सिंग जामवाल हांणी माहिती दिली की पाच सदस्यांच्या पंगडान भारतातल्या प्रत्येक राज्यात सर्वोच्च शिखरा चेर भारतीय राष्ट्रीय ध्वज, तिरंगा हुबयलो. कर्नल आर एस जामवाल, नायब सुभेदार त्सेवांग चोसगेल, एनबी सब नेहपाल सिंग, हवालदार केवल आणि हवालदार सुशील कुमार यांच्या पाच सदस्यांच्या पंगडान मार्गात येवपी आव्हानांचेर मात करून कांचनजंगा मोहीम पूराय केली. ही मोहीम प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मेरी माटी मेरा देश या दृष्टिकोना कडे लेगीत सुसंगत आसा

महेश 70

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालय येत्या काय दिसांनी योग दिसाये फांटभुयेर मोहीमो राबयतले. हातुंतयोग उपक्रमां खातीर माहितीपट आणि टॉक शो आसतलो. १ मे ते १५ मे मेरेन आकाशवाणीच्या खबरा पत्र विभागा वरवी योग कार्यक्रमां विशीचो पडदो उघडपी कार्यावळ सादर जातली.हातुंत १. आंतरराष्ट्रीय योग दिन/योग संगम/योग बंधन/योग पार्क/योग सामवेश/योग कनेक्ट, मिशन लाईफ/योग महाकुंभ बद्दल च्यो कथा २. कृषी संकल्प अभियाना खातीर कृषी मंत्रालयाचे तशेच आयुष मंत्रालय आनी योग समुदायाच्या कथांचो आसपाव आसतलो

वेदर 80

भारतिय  हवामान खात्यान आयज ईशान्य वाठार, दर्यादेग आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, केरळ, तमिळनाडू आनी पुडुचेरींत घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान आयज ओडिशा, तेलंगना आनी अस्तंत बंगालांतुय  घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयपीएल 80

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत प्लेऑफाची सुरवात आयज जातली. गुणतालिकेत पयल्या स्थानार आशिल्लो पंगड  पंजाब किंग्स आयज सांजवेळार मुल्लनपूरांत जावपी पयल्या क्वालिफायर मॅचिंत दुसरे

क्रमांकार आशिल्ल्या रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा आड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो खेळ सुरू जातलो .

आणि आता खबरो सोपोवचे परत काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती भवन सांस्कृतीक केंद्रांत आयज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू साहित्य परिशदेचें उक्तावण करतली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सिक्किम, अस्तंत बंगाल आनी बिहाराक भेट दिवन जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले

ऑपरेशन सिंदूर वेल्या भारताच्या राजनैतिक संपर्काचो भाग म्हणून JDU खासदार संजय झा हाच्या फुडारपणाखालचे सर्वपक्षीय संसदीय शिष्टमंडळ इंडोनेशियातल्या जकार्तात पावल्या.

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालय येत्या काय दिसांनी योग दिसाये फांटभुयेर मोहीमो राबयतले

भारतिय हवामान खात्यान आयज ईशान्य वाठार, दर्यादेग आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, केरळ, तमिळनाडू आनी पुडुचेरींत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत प्लेऑफाची सुरवात आयज जातली.

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो राष्ट्रीय खबरो आयकात सांजेच्या 6.30 मिनिटांचेर नमस्कार